# राजभवन वाठारांत पणसाची झाडां रोवपाच्या कार्यक्रमाचो शुभारंभ

ता. 12 ऑक्टोबर 2021

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज राजभवन वाठारांत अयुर जातीच्या पणसाची रोपां लावपाच्या कार्यक्रमाचो शुभारंभ केलो. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या 71 व्या वाडदिसानिमतान राजभवनान ग्रीन वर्ल्ड, क्लीन वर्ल्ड फाउंडेशन, केरळ हांच्या सहकार्यान राजभवन वाठारांत पणसाची बाग विकसीत करपाच्या ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. राजभवन वाठारांतल्या एक हजार चौ. मी. जागेत अयुर जातीच्या पणसाची 71 झाडां रोवपात येतली.

राज्यपालान पयलो पणसाचो रोपो रोवन लागवड कार्यक्रमाचो शुभारंभ केलो. ग्रीन वर्ल्ड, क्लीन वर्ल्ड फाउंडेशनाचे अध्यक्ष श्री. जॉर्ज कुलंगारा आनी राष्ट्रीय स्मारक प्राधिकरणाचे अध्यक्ष श्री. तरूण विजय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

अयुर ह्या विशेश पणसाच्या फळझाडाच्या लागवडीचो देशभर विकास आनी प्रसार करपा खातीर फाउंडेशना वतीन चालू आशिल्ल्या प्रयत्नांची राज्यपालान तोखणाय केली. राजभवन वाठारांतल्या हिरवळीत भर घालपा खातीर केल्ल्या प्रयत्नां खातीर राज्यपालान फाउंडेशनाचे उपकार मानले.

ग्रीन वर्ल्ड, क्लीन वर्ल्ड फाउंडेशनाच्या तांत्रिकी पंगडान राजभवन कर्मचाऱ्यांक अयुर पणसाच्या झाडांची लागवड आनी देखभालीविशीं प्रात्यक्षीकां दाखयली.

अयुर जॅकफ्रूट ही ग्रीन वर्ल्ड, क्लीन वर्ल्ड फाउंडेशनान विकसीत केल्ली खास देशी पणसाची जात आसा. एक ते दोन वर्सांमदी झाडाक फळां लागतात आनी 21 फुटांमेरन झाडाची उंची वाडटा. ह्या झाडांक वर्सातल्यान दोन फावट फळां लागतात. पणसाचे झाड वर्सभरय ऑक्सिजन दिता. तशेंच पणसाचे घरें पुश्टीक आसतात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/851

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji